Akashwani Panaji 16th July 2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबाचा दौर्यार आसतले

* भारताची अर्दवायू डिझायन आनी उत्पादन पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 1 लाख 27 हजार 500 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पीय खर्चान सेमीकॉन 2.0 मान्यताय दिल्या.

* आयज नामनेची जगन्नाथ रथयात्रा ओडिशाच्या पुरींत सुरू जातली.

* भारत-इयु वेपार आनी तंत्रज्ञान परिशदेची बसका भागीदारीची गती मुखार व्हरतली असो विस्वास विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी उक्तायला.

Murmu on Ayurveda

काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘सौश्रुतम् 2026’ च्या उक्तावण सुवाळ्याक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाजीर आशिल्ल्यो. ह्या वेळार तरणाट्यांक मार्गदर्शन करतना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें...(byte) समाजाच्या बऱ्या खातीर आयुर्वेदांत आधुनीक तंत्र आपणावचो असो उलो राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मारला, हे वांगडाच आयुर्वेदाचे शिक्षण घेवपी बायलां भुरग्यांक तांणी सांगलें.

jaggannath

आयज महाप्रभू जगन्नाथ, बालभद्र आनी देवी सुभद्राची नामनेची रथयात्रा ओडिशाच्या पुरींत सुरू जातली. अशे मानतात कि रथयात्राच्या वर्सुकी उत्सवांत महाप्रभू जगन्नाथ आनी ताची भावंडा रथांतल्यान भोशीक दर्शन दितात आनी तांच्या मावशेचे निवासस्थान म्हणून पूज्य गुंडीचा देवळाक भेट दितात. पुरी देवळा वयल्यान सुरू जावपी ही यात्रा सुमार 3 किलोमीटर अंतराचेर श्री गुंडीचा देवळांत सोंपतली. महोत्सव सुचारूपणान चलचो हे खातीर बहुस्तरीय सुरक्षा वेवस्था केल्या.

हे निमतान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सगळ्या लोकांक ह्या यात्रे निमतन परबी भेटायला. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी जगन्नाथ रथयात्रा निमतान देशांतल्या लोकांक परबी भेटयला . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री शाह  हांणी , संवसारीक नामनेची जगन्नाथ रथ यात्रा ही अखंड श्रद्धा, विस्वास, आनी भक्ती हांचें प्रतीक आसा अशे म्हणला. हे पवित्र रथयात्त्रे वरवी भारताचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचो अनभव घेवांक मेळता आनी देवाचा अखंड भक्तीचो आस्वाद घेवंक मेळता अशें तांणी सांगलें.

Modi

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबाचा दौर्यार आसतले . हरियाणाच्या जिंद रेल्वे स्टेशनाचेर जिंद आनी सोनीपत हांचे मदीं भारताचा पयल्या हायड्रोजन गाडयेक प्रधानमंत्री पांचवो बावतो दाखयतले . प्रधानमंत्री मोदी जींडांतल्या एकलव्या स्टेडियमांत सुमार 14 हजार 700 कोटी रुपयांचे वेगवेगळे उदरगत प्रकल्पांची बुन्यादि  फातर बसयतले  आनी राष्ट्राक समर्पित करतले.प्रधानमंत्री दनपारां चंडीगढाक वतले आनी थंय भलायकी, शिक्षण आनी रस्त्याच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो आस्पाव आशिल्ल्या स हजार 600 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचे  उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री चंडीगढच्या पोस्ट ग्रेजुएट इन्स्टिटट्यूट ऑफ मेडिकल एज्युकेशन अँड रिसर्च  हांगा अ्व्हान्सड मदर अँड चाइल्ड सेंटर आनी अ्व्हान्स न्यूरोसायन्सेस सेंटराचे उक्तावण करतले.तशेंच ते  जालंधराक भेट दितले आनी थंय ते पांच हजार 470 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांची  बुन्याद घालुन उक्तावण करतले. अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला जालंधर कँट सयत 75 पुनर्विकसीत केल्ल्या रेल्वे स्टेशनांचें उक्तावण ते करतले.

vaishnav

भारताची अर्दवायू डिझायन आनी उत्पादन पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 1 लाख 27 हजार 500 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पीय खर्चान सेमीकॉन 2.0  मान्यताय दिल्या. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां विशीं जाहीर केलें. भारताक जागतीक अर्दवायू नकाशांत हाडपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय फुडें व्हरपाचो हे येवजणेचो हेत आसा अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें. तशेंच मंत्रीमंडळान मोबायल फोन उत्पादन येवजणेक 62 हजार 500 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पीय खर्चान मंजूरी दिल्या. ह्या येवजणे वरवीं देशी मोबायल फोन उत्पादन वाडोवप, थळावें मोल वाडोवप आनी जागतीक इलक्ट्रॉनिक्स उत्पादन केंद्र म्हूण भारताची सुवात घटमूट करपाचो हेतू आसा.तशेंच उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींतल्या दोन  कॉरिडोर प्रकल्पांक सरकारान मान्यताय दिल्या, जाका लागून रस्त्यांची जोडणी सुदारतली आनी गर्दी आनी प्रवास वेळ उणो जाता.तशेंच ओडिशा आनी झारखंडांतल्या चार जिल्ह्यांक आस्पावपी दोन मल्टीट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिली, जाका लागून भारतीय रेल्वे नेटवर्काचो सुमार 145 किलोमीटर विस्तार जालो. तशेंच आत्मनिर्भर भारता खातीर युरिया-2026 खातीर राष्ट्रीय गुंतवणूक धोरणाक मान्यताय दिल्या.

बिरला

‘संवसारीक तरणाटे कुशळटाय दिसा’ निमतान उलयतना लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी भारताची सगळ्यांत व्हडली ताकद ‘युवा शक्ती’ अशे सांगलें. तरणाट्यांची उर्जा, कुशळटाय आनी नवो दृष्टिकोन ही ‘विकसीत भारता'चें सपन साकार करपाक सगळ्यांत घट बुन्याद तयार करता अशें तांणी नदरेक हाडलें. ह्या संदर्भार तांणी भारताच्या कुशळ तरणाट्यांक परबी दिली आनी आत्मनिर्भर जावपाखातीर कुशळटाय आनी तंत्रगिन्यान गरजेचें आसा हाचेर भर दिलो.

jaishankar

भारत-इयु वेपार आनी तंत्रज्ञान परिशदेची बसका भारत - युरोपीय संघटनेची एफटीए, सुरक्षा आनी संरक्षण भागीदारी आनी मोबिलिटी फ्रेमवर्कान सक्षम केल्ल्या भागीदारीची गती मुखार व्हरतली असो विस्वास विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी उक्तायला. काल ब्रुसेल्सांत जाल्ले तिसरे भारत - युरोपीय संघटनेचे वेपार आनी तंत्रज्ञान मंडळाचे बसके उपरांत मंत्र्यानी पत्रकारांक हें विधान केलें. भारत आनी युरोपीय संघांत सैमीक संबंद आसा अशें तांणी सांगलें. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणीय भारत-ईयू एफटीएचें वर्णन- नितीमत्व आनी समतोल अशें केला. बसकेंतल्या चर्चांचेर भर दितना तांणी सांगलें की, हि भागीदारी नवनिर्माण चालीक लायिल्ली, विस्वासांत घेवपा सारकी आनी फुडाराचा हिता खातीर एक दृश्टीकोन आसा

Sabarimala

केरळांत म्हयन्याळ्या पूजा खातीर आयज सबबरीमालाचें दोंगराळ देवस्थान उक्तें जातलें. आयज सांजवेळा सावन ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखे मेरेन देवूळ दर्शना खातीर उक्तें आसतलें. चड गर्दी टाळपा खातीर यात्रेकरुंक फकत आभासी रांक प्रणाली वरवीं प्रवेश मेळटलो.

Mp

मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री dr मोहन यादव आयज नवी दिल्लींत जावपी भारत टेक्स 2026 सर्तींत वाटेकर जातले. ही कार्यावळ भारत मंडपम हांगा जाता. भारत आनी परदेशांतल्या कापड गुंतवणूकदारांक आनी उद्देगीक फुडाऱ्यांची भेट ते घेतले . ते उद्देगीक धोरणां मांडटले. तशेंच कापड क्षेत्रांतल्या गुंतवणुकीच्या संदीचेर भर दितले.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेश, अस्तंत बंगाल आनी ओडिशात  आयज काय सुवातींनी  पावस पडपाची शिटकावणी आनी orange अलर्ट  जारी केला .आयज  आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगढ़, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, हिमालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंडत  उटानगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

sports

क्रिकेटांत आयज कार्डिफच्या सोफिया गार्डन्सांत भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं 3 मचींच्या मालिकेची दुसरी एक दिवसीय आंतरराष्ट्रीय मच जातली  . ही मच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 5:30 वरांचेर सुरू जातली.

परतून एक फावत आयच्यो मुखेल खब्रो

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबाचा दौर्यार आसतले

* भारताची अर्दवायू डिझायन आनी उत्पादन पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 1 लाख 27 हजार 500 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पीय खर्चान सेमीकॉन 2.0 मान्यताय दिल्या.

* आयज नामनेची जगन्नाथ रथयात्रा ओडिशाच्या पुरींत सुरू जातली.

* भारत-इयु वेपार आनी तंत्रज्ञान परिशदेची बसका भागीदारीची गती मुखार व्हरतली असो विस्वास विदेश वेव्हार  मंत्री dr s  जयशंकर हांणी उक्तायला.